# गोंय क्रांती दिसानिमतान राज्यपालाचो संदेश

ता. 17 जून 2026

गोंयचे राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी गोंयच्या लोकांक गोंय क्रांती दिसाची परबीं भेटयल्या. राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, "गोंय क्रांती दिसाच्या इतिहासीक प्रसंगार हांव गोंयच्या सगळ्या लोकांक म्हजी उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयता.

गोंय स्वातंत्र्य चळवळीच्या इतिहासात 18 जूनाक खास सुवात आसा. गोंयच्या लोकांखातीर गोंय क्रांती दिसाक व्हड म्हत्व आसा. 1946 वर्सा ह्याच दिसा डॉ. राम मनोहर लोहिया हांणी स्वातंत्र्याची ज्योत पेटयली, जी गोंय मुक्ती मेरेन पेटत रावली. तांच्या मडगांवच्या लोहिया मैदाना वयल्या भाशणान गोंय मुक्ती चळवळीक नवी गती आनी निर्णायक दिका मेळ्ळी आनी गोंय मुक्ती चळवळीच्या इतिहासाक निमाणो अध्याय उक्तो जालो.

हो दीस आमकां गोंयान मुक्ती उपरांतच्या काळात केल्ल्या तोखणायेच्या विकासाचो नियाळ घेवपाची संद दिता. गोंय राज्यान आपले खास दायज आनी प्रतिमा सांबाळून शिक्षण, संस्कृती, पर्यटन आनी अर्थिक विकासाच्या मळार भरीव प्रगती केल्ली आसा आनी ही प्रगती गोंय मुक्ती खातीर त्याग केल्ल्याच्या दुरदिश्टीक आनी धाडसाक खरी आदरांजली आसा.

आयच्या ह्या इतिहासीक उगडासाच्या दिसा आमी सगळ्यांनी तमाम हुतात्मे, स्वातंत्र्य सैनिक आनी फुडाऱ्यांक आदरान नमन करूया, जांचो त्याग आनी दुरदिश्टीक लागून गोंय मुक्तीचो मार्ग उक्तो जालो. आमी स्वातंत्र्य, शांतिकाय, सलोखो आनी आस्पावीत विकासाप्रती आमची बांदीलकी आनीक मजबूत करूया. गोंय क्रांती दिसाच्या भावनेतल्यान आमचे राज्य आनी देशाची प्रगती आनी भरभराटी खातीर योगदान दिवपाक सध्याच्या आनी फुडल्या पिळग्यांक प्रेरणा मेळू, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/425

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.